**<u>राश्ट्रीय खबरो,९ फेब्रुवारी २०२५ सांजेची ६.३० वरां.</u>**

**छत्तीसगड १३०**

छत्तीसगडच्या बिजापूर जिल्ह्यांत आयज सकाळीं सुरक्षा दळ आनी नक्सली हांचे मदीं जाल्ल्या चकमकींत 31 नक्सलवाद्यांक मरण आयलें. तांच्यो कुडी ताब्यांत घेतल्यात. दोन जवान शहीद जाल्यात जाल्यार दोग जखमी जाल्यात तांची स्थिती स्थीर आसा अशें पुलिसांनी सांगलें. नक्सलवाद्यां वांगडा फारपेट आजून सुरू आसा. मजगतीं, फारपेट जाल्ल्या सुवातेवेल्यान व्हड प्रमाणांत शस्त्रां आनी दारुगुळो जप्त केला.

बीजापूरच्या इंद्रावती राश्ट्रीय उद्यान वाठारांतल्या रानांत आयज सकाळीं सुरक्षा दळान सोद मोहिम सुरू केली. ही कारवाय चालू आसतना नक्सलवाद्यांनीं तांचेर फारपेट सुरू केलो. सुरक्षा दळान तें प्रतिउत्तर दिलें.

हातूंत 31 नक्सलवाद्यांक मरण आयिल्ल्याची म्हायती बस्तरचे पुलीस महानिरीक्षक सुंदरराज पी. हांणी दिल्या. ह्या फारपेटींत राज्य पुलीस दळाचो एक आनी खासा कृती दळाचो एक अशे दोन जवान शहीद जाले, जाल्यार हेर दोग जखमी जाल्यात. तांचेर हॉस्पिटलांत उपचार सुरू आसात आनी तांची भलायकी स्थीर आसा अशी म्हायती सुंदरराज हांणी दिली.

**अमित शहा ३५**

छत्तीसगडांत नक्सलवाद्या आड जाल्ले कारवायेंत मरण आयिल्ल्या दोग शहीद सैनिकांच्या कुटुंबीयांच्या दुख्खांत आपूण सहभागी आशिल्ल्याचें घरमंत्री अमित शहा हांणी म्हळां.

सोशल मिडिया वरवीं केल्ल्या एका पोस्टांत शहा हांणीं ह्या नायकांच्या देश सदांच रिणांत उरतलो अशें म्हळां.

**राष्ट्रपती ५०**

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू फाल्यां प्रयागराजांतल्या महाकुंभाक भेट दितली. गंगा, यमुना आनी सरस्वतीच्या त्रिवेणी संगमांत ती पवित्र स्नान घेतली.

तशेंच राष्ट्रपती मुर्मु अक्षयवट आनी व्हडल्या हनुमान मंदिराक भेट दितली. आधुनीक तंत्रगिन्यानाच्या माध्यमांतल्यान डिजिटल महाकुंभ केंद्रांत महाकुंभा विशीं राष्ट्रपती म्हायती घेतली. ह्या वेळार उत्तर प्रदेशाचे मुखेलमंत्री योगी आदित्यनाथ लेगीत हाजीर आसतले.

**परीक्षा पे चर्चा - १००**

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फाल्या ११ वरांचेर देशभरांतल्या विद्यार्थी , पालक आनी शिक्षकांकडेन ' परीक्षा पे चर्चा ' कार्यावळीतल्यान संवाद

सादतले. ओंदू ह्या कार्यावळीची आठवी आवृत्ती. परिक्षेची तयारी, ताण वेवस्थापन, आनी विद्यार्थ्यांची वैयक्तीक जडण घडण हांचे विशीं प्रधानमंत्री आपले विचार मांडटले. ह्या कार्यावळींत देशभरांतले वेंचीक विद्यार्थी प्रधानमंत्र्यांक प्रस्न विचारतले. दूरदर्शना वरवीं डीडी नॅशनल, डीडी न्यूज आनी डीडी इंडिया वरवीं हो कार्यक्रम लायव्ह प्रसारीत जातलो. तशेंच रेडिओ चॅनलांचेर लायव्ह प्रसारणा वरवीं आकाशवाणी एफएम चॅनल , पीएमओ, एमओई, मायगॉव्ह डॉट इन युट्युब चॅनलांचेर लायव्ह वेब स्ट्रीमिंग, फेसबूक लायव्ह, दिक्षा, पीएम ई विद्या आनी एमओईच्या स्वयंप्रभा चॅनलांचेर ही कार्यावळ उपलब्ध जातली.

**दिल्ली- १००**

दिल्ली विधानसभा वेंचणुकेंत आम आदमी पक्षाची हार जाले उपरांत आयज मुखेलमंत्री अतिशी हांणी नायब गव्हर्नर व्ही . के. सक्सेना हांचेकडेन  आपलो राजिनामो  सादर केलो. नवे सरकार स्थापन जाय मेरेन अतिशी काळजीवाहू मुखेलमंत्री म्हणून काम पळयतली.

काल जाहीर केल्ल्या दिल्ली विधानसभा वेंचणुकेच्या निकालांत सुमार तीन दसकां उपरांत भाजपान पुनरआगमन करीत सत्तरांतले अठ्ठेटचाळीस जाग्यांचे जैत मेळयलें. आम आदमी पक्षाक 22 जाग्यांचेर समाधान मानचें पडलें.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी विदेश  भोंवडेंवेल्यान परतून आयले उपरांत भाजप सरकार घडोवपाचो दावो करपाची शक्यताय आसा. दिल्लींत भाजपाक मेळिल्लें जैत हें भाजपाच्या डबल इंजिन सरकाराचेर देशाच्या विस्वासाचें प्रतीक आशिल्ल्याचें मत काल दिल्ली भाजपाच्या मुखेल कार्यालयांत कार्यकर्यांकडेन  उलयतना प्रधानमंत्र्यांनी उक्तायलें.

**रेल्वे मंत्री  ६५**

म्हायती आनी प्रसारण तशेंच रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी आयज गोरखपूर रेल्वे स्थानकाची पळोवणी करून गोरखपूर जंक्शनाच्या प्रस्तावीत मॉडेलाचो नियाळ घेतलो.

रेल्वे अधिकाऱ्यांनी मॉडेल स्टेशनाची सविस्तर म्हायती  केंद्रीय मंत्री वैष्णव हांका दिली. गोरखपूराची संस्कृताय आनी दायज मतींत दवरून ह्या रेल्वे स्थानकाची रचना केल्या. नव्या विमानतळ टर्मिनला लागसार नवे रेल्वे स्थानक बांदपाची येवजण करपा खातीर लेगीत अधिकाऱ्यांक सुचोवण्यो दिल्या अशें मंत्री वैष्णव हांणी सांगलें.